भारतरत्न



जवाहरलाल नेहरू

प्रकाश थळी

जवाहरलाल नेहरू

प्रकाश थळी

जवाहरलाल नेहरू

लेखक : प्रकाश गं. थळी
उजरो, राय, सालसेत - गोंय.

प्रकाशन क्रमांक : 163

1996

© **प्रकाशक :** प्रभाकर द. भिडे
राजहंस वितरण, 1-मीनाक्षी बिल्डिंग,
डॉ. व्होल्फांगु द सिल्व्ह मार्ग,
पणजी - 403 001

छपाई : राजहंस ऑफसॅट, पणजी.

मुखपृष्ठ आनी सजावट : दीपक पेडणेकार

मोल :
1996 --- 20 रुपया
1997 --- 20 रुपया
1998 --- 24 रुपया

ISBN 81-85854-62-9

जवाहरलाल नेहरू



नेहरू घराणें मूळचें कश्मीरांतलें. तेन्ना तांचें आडनांव आशिल्लें 'राजकौल'. पूण फुडें नांव आनी पयसो जोडपाच्या निमतान हें घराणें दिल्लीक आयलें. एका खारजाच्या कांठार तांणी रावपाक सुवात मेळयली. खारजाक हिंदी भाशेंत 'नहर' म्हणटात. ताचेवयल्यान नहराच्या कांठार रावपी ते 'नेहरू' अशें तांचें आडनांव जालें.

जवाहरलालजी म्हळ्यार वसंत ऋतूंतलो उल्हास ! तसोच दोळे दिपकावणो झेत, तशेंच रंगयाळें व्यक्तिमत्व आनी भुरग्यांभाशेन खेळकर सभाव. रसीकताय वयल्या पांवड्याची आनी तितलीच धीरगंभीरताय. कोणें ताका कश्मीरी सफरचंद म्हळें! हें देखणेपण आनी गूण तांकां तांच्या जाणटेल्यांची भूंय जें कश्मीर हाचेकडल्यानूच मेळळें जावंक जाय ! कश्मीर म्हळ्यार भारताचें नंदनवन मानतात. सैमाचे सोबीतकायेंत अपरूप असो तो प्रांत. सर्गीय यक्षकिन्नराची आनी गंधर्वाची ही भूंय.

जवाहरलालजीचो आजो गंगाधर नेहरू हो दिल्लीचो कोतवाल आशिल्लो. जाल्यार ताजो चलो मोतिलाल हो गिरेस्तकायेचो बादशहाच ! मोतिलालाचो सुपुत्र म्हळ्यार भारताचो पयलो प्रधानमंत्री जवाहरलाला हो भारती जनतेच्या काळजाचो सम्राटूच जावन रावलो. गंगाधर नेहरूक पिरायेच्या फकत चवतिसाव्याच वर्सा मरण आयलें. बापायच्या मरणा उपरांत तीन म्हयन्यांनी 1861 त मोतिलाल जल्मलो. मोतिलालजीच्या जल्माआदीं म्हळ्यार 1857त उठाव जाल्लो आनी त्या वेळार नेहरू घराब्याचो दिल्लीकडलो संबंद तुटलो. तांची अर्थीक स्थिती खालावली आनी तें कुटूंब दिल्ली सोडून आग्राक गेलें.

मोतिलालजीचें व्यक्तिमत्व भोवरंगी-भोवढंगी अशें. दिसूंक सुंदर आनी तेभायर गिरेस्तकाय घर भरून दार ओतता अशी. ताजी पयली बायल अल्पायुशी थरली. उपरांत स्वरूपराणी नांवाचे चलयेवांगडा ताजें दुसरें लग्न जालें. स्वरूपराणी नांवा प्रमाणूच सोबीत आशिल्ली. ही जशी देखणी आनी नाजूक तब्येतीची आशिल्ली तशीच देसभक्तीन भरिल्ली खंबीर मनाची वीर नारीय आशिल्ली.

अशी ह्या गिरेस्त पूण उकत्या मनाच्या, सुंदर पूण खंबीर काळजाच्या, विलासाप्रिय पूण ध्येयनिश्ट आनी गिरेस्त पूण बुध्दिमान अशा आवयबापायच्या पोटांत 14 नोव्हेंब्र 1889 ह्या दिसा अलाहाबादाक जवाहरलाल जल्मलो.

भुरगेपण

भुरगेपणांतल्या जायत्या उगडासांमदीं आपणाल्या वाडदिसाविशीं खुद्द जवाहरलालजीनूच आत्मचरित्रांत इल्लें बरोवन दवरलां. ताचो वाडदीस खूब थाटामाटान मनयताले. त्या दिसा तो बरेबरे कपडे घालतालो. भांगराच्यो वस्ती घालतालो. तागडेच्या एका दाल्यांत जवाहरलाजीक बसयताले आनी दुसऱ्या दाल्यांत तितल्याच वजनाचें गोडशें आनी खावपाचे जिनस घालताले. उपरांत ते जिनस गरिबांक वांट्टाले.

नेहरू घराब्याचे सोयरे आनी इश्ट मागीर ताका जायत्यो वस्तू भेट म्हणून दिताले तेन्ना जवाहरलाल खोश्शी जातालो. ताका दिसतालें 'वाडदीस म्हणटात तो वर्सांतल्यान एकूच फावट कित्याक येता ? परतो परतो कित्याक येना ?'

जवाहरलालजीचे लाड आनी अर्थ-अपुर्बाय खूब जाताली खरी पूण तेचबराबर ताका बापायचो बरोच धाकूय आशिल्लो. बापायच्या रागीट सभावाची एक याद ताणें बरोवन दवरल्या.

'हांव तेन्ना कितेंय पांच-स वर्सांचो बी आसतलों. एक दीस म्हाका कचेरेंतल्या मेजार दोन फाउंटनपॅनां दिसलीं. आशाड्डेपणान हांव तांचेकडेन पळेतूच उरलों. मनांत आयलें, बापायक कांय एकाच वेळार दोनूय पॅनां लागचीं नात. देखून हांवें तातूंतलें एक फारायलें. मागीर म्हाका कळळें, शेणिल्ल्या पॅनाचो तपास मोट्या नेटान आनी बारीकसाणीन चलला. म्हज्या हातांतल्यान घडिल्ले चुकीक लागून भिंयेवन म्हजी सामकी गुळी जाल्ली. पूण कबूल मात जालोंना. पूण अखेरेक तांकां म्हजेकडेन पॅन मेळ्ळें आनी हांव गुन्यांवकार थरलों. बापूय रागान सामको तांबडोगूंज जालो आनी ताणें म्हाका येतिश्ट मार दिलो.

भुरगेपणांतली आनीक एक याद जवाहरलालजीच्याच उतरांनी :

'तेन्ना हांव चड करून सात वा आठ वर्सांचो आसतलों. हांव सद्दां घोड्यार बसून भोंवडेक वतालों. म्हजेवांगडा अलाहाबादच्या घोडदळांतलो एक स्वार दिताले. एक दीस सांजेचो हांव घोड्यावयल्यान रस्त्यांत पडलों आनी तो म्हजो सुंदर घोडो रिते फाटीन घरा परतलो. म्हजो सगल्यांक हिस्पाभायर हुस्को जालो. घरांत दर एकलो मेळत तें वाहन घेवन म्हाका सोदपाक भायर सरलो. एक व्हडली मिरवणूकशी तयार जाली. अखेरेक हांव तांकां वाटेर मेळळों. मागीर म्हजी अपुर्बाय जाली तिका सुमारूच ना. म्हाका दिसलें, हांव एके व्हडले लडायेंत व्हडली तलवार मारून पराक्रम गाजोवन बी आयलां काय कितें ?

सुरवातेचें शिकप

जवाहरलाल तसो ल्हानपणांत एकलो एकलोच आशिल्लो. घरांत ताजे पिरायेचो आनीक ल्हान कोण नाशिल्लो. विजयालक्ष्मी आनी कृष्णा ह्यो दोन भयणी ताजेपरस खुबूच ल्हान आशिल्ल्यो. त्या तिगांय भांवडांमदीं जायत्या वर्सांचें अंतर आशिल्लें. ताका लागून भुरग्या जवाहरलालजीक ल्हानपणांत बरोबरचे सवंगडी मेळ्ळेनात. मोतिलालजीन ताका शिकपाखातीर भायले शाळेंतूय खंय धाडलोना. ताका लागून शाळासांगाती वा वर्गामित्रूय लाबले नात. माणकुल्या जवाहरलालजीचें मुळावें शिकप घराकडेनूच जालें.

आवय आनी काकी हांचेकडल्यान ताका रामायण, महाभारत आनी पुराणां हातूंतल्यो जायत्यो काणयो आयकूंक मेळटाल्यो. बापायचो मास्तर मुन्शी मुबारक अली हाजेकडल्यान अरबी रातींतल्यो अजापांच्यो काणयो आयकल्यो. उपरांत जवाहरलालजीक शिकोवपाक बापायन जायते मास्तर दवरले. तातूंतल्या एफटी ब्रूक्स नांवाच्या एका आयर्लंडी शिक्षकाकडेन ताजी बरीच इश्टागत जाली. ब्रूक्साच्या सांगाताक लागून जवाहरलालजीक वाचपाची रूच लागली. जायत्या तरांचीं पुस्तकां ताणें वाचून काडलीं. कितल्योशोच इंग्लीश कविता तोंडंपाठ जाल्यो. संगीत आयकलें, तरेकवार शास्त्रांची वळख जाली.

स्वता ब्रूक्स थिऑसॉफीचे विचारसरणीचो आशिल्लो. ताज्या सांगातान जवाहरलालजीक ते गूढ विचारसरणेविशीं ओड निर्माण जाल्ली. त्याच अदमासाक ॲनी बेझंट ही तत्वज्ञ बायल अलाहाबादाक आयिल्ली. तिजीं थिऑसॉफीवयलीं भाशणां आयकून जवाहरलाल सामको पिसो जातालो. त्या वेळार तो फकत तेरा वर्सांचो आशिल्लो. पूण आपणेंय थिऑसॉफिकल सोसायटीचो वांगडी जावंचो अशें ताका दिसतालें. ताणें भिंयेभिंयेत बापायकडेन परवानगी मागली. बापायन ताका हांसतहांसत सहज परवानगी दिली.

शिकपाखातीर विलायतेंत

जवाहरलाल सोळा वर्सांचो जालो तेन्ना ताका फुडल्या शिकपाखातीर विदेशांत दवरपाचो निर्णय मोतिलालजीन घेतलो. अपुर्बायेच्या जवाहराक पयस दवरप ताज्या जिवाक लागतालें. पूण हुसक्यापरस वा चल्याच्या मोगापरस ताजे फुडाराविशींचे जाणविकायेक ताणें वयली सुवात दिली. चल्याक बरें शिकप दितलो जाल्यार मन मातशें मारचेंच पडटा हाजी ताका जाणविकाय आशिल्ली.

1905 वर्सा मायाच्या म्हयन्यांत मोतिलाल स्वरूपाराणी आनी धाकली भयण हांचेवांगडा जवाहरलाल लंडनाक पावलो. थंय हॅरो म्हणटात त्या विद्यालयांत ताणें प्रवेश मेळयलो. तो थंयच रावलो आनी बाकीचीं येरोपांत भोंवून मायदेसाक परतलीं.

जवाहरलाल स्कुलाच्या जिवितांत आपणालो जीव रमोवपाचो यत्न करीत आसतालो. पूण ताजी ओड खेळ, राजकी घडणुको, विमानविद्या अशा गजालींकडेन चड आशिल्ली. सुरवातेक ताचें लॅटीन भास शिकप सारकें नाशिल्लें म्हणून ताका सकयल्या वर्गांत बसयल्लो. सरसकट भुरग्यांपरस जवाहलालजीचें आलायतें वाचप भरपूर जाल्लें. ह्या विद्यालयांत व्हडल्या व्हडल्या मानेस्तांचीं भुरगीं येतालीं पूण तांचें सामान्यज्ञान सामकेंच उणें आशिल्लें.

राजकी घडामोडींविशीं जवाहराक ओड आशिल्लीच. तेभायर विमानविद्येविशीं जवाहरलालजीक खूब आवड आशिल्ली. त्या वेळार रायट बंधू, सातोदुमो, फारमन, लॅथम बी विमानिकांचीं नांवां प्रसिद्द आशिल्लीं. जवाहरलालाक दिसतालें आपणेंय बी एक बरो विमानीक जावचेंशें. ताणें एक फावट उमेदीच्या नेटान ताणें बापयक पत्रांतल्यान कळयलें : 'थोड्याच दिसांनी विमानाच्या आदारान दर सप्तकाक हांव तुमकां मेळपाक येतलों.'

ल्हवल्हव करून थंयच्या भोंवतणांत जवाहरलाल रमपाक लागलो.

तरीय अदींमदीं तातूंत कितेंय पूण उणेंशें, चुकिल्लेवरी ताका जातालें. ताका तें वातावरण संकुचीतशें दिसूंक लागिल्लें. ताजी नदर आतां विद्यापिठाकडेन लागिल्ली.

कँब्रीज विद्यापिठांत पावल

1907 वर्सांच्या ओतुब्र म्हयन्यांत जवाहरलालान हॅरो सोडून कँब्रीजांतल्या ट्रिनिटी कॉलेजींत पावल घालें. आतां तो शाळेच्या वातावरणांतल्यान मेकळो जावन विश्वविद्यालयाच्या विश्वांत पाविल्लो.

कँब्रीजाक जवाहरलालान तीन वर्सां काडलीं. ह्या काळांत ताणें खूब इश्ट जोडले, खूब वाचप केलें. साहित्य, इतिहास, राजकारण, अर्थशास्त्र आदी साबार विशयांवयली भासाभास आयकली. जवाहरलालजीच्या अभ्यासाचे विशय आशिल्ले रसायनशास्त्र, वनस्पतशास्त्र आनी भूस्तरशास्त्र. रोखडीच ताणें ह्या विशयांची पदवी मेळयल्ली.

थंय आसतनाच जवाहरलालाक बिपिनचंद्र पाल, लाला लजपतराय आनी गोपाळकृष्ण गोखले हांचे विचार आयकुपाक मेळळे. लाला लजपतरायाच्या भाशणांचो परिणाम जवाहलालजीच्या मनार चड जालो. कॉंग्रेसीच्या राजकारणांत फुडें जांणी वांटो घेतलो अशें जायते भारती तरणाटे त्या वेळार कँब्रीजांत शिकताले.

बॅरिस्टर

कँब्रीजाक आसतनाच फुडें कितें हो प्रस्न जवाहरलालामुखार आशिल्लो. ताजेर विचार चलतालो. सिवील सर्विसेंत (आयसीएस) वचचें काय भारतांत परतो येवन दुसरें कितेंय करचें हाचेर येवजितां येवजितां ताणें बापायचो वकिलीचो वेवसाय आपणावपाचो निर्णय घेतलो. तेखातीर तो बॅरिस्टर जावपाचे तयारेक लागलो.

पदवी मेळयले उपरांत 1910 त ताणें कँब्रीज सोडलें आनी बॅरिस्टर जावपाखातीर तो लंडनाक गेलो. त्या दोन वर्सांनी ताणें युरोपांत हेर कांय देसांचीय भोंवडी केली.

अशेच एके भोंवडेचेर नॉर्वे देशांत तो 1910 वर्सा गेल्लो तेन्ना जिवावयल्या संकश्टांतल्यान थोडेभितर वाटावलो. इश्टांवांगडा दोंगरार भोंवतना खूब चलून आयिल्लो. देंवपाचे सुवातेर ताणें कोणाकडेन तरी न्हावपाखातीर इल्लें उदक मागलें. तें ताका मेळ्ळेंना. देखून तो लागींच्याच व्हाळार न्हावपाक तुवालो घेवन इश्टांवांगडा गेलो. तो उदकांत देंवलो. तळ चड खोल नाशिल्लो. पूण उदक थंड आशिल्लें. पोंदा शेळो आशिल्लो. पाय तेंकताले पूण सुळसुळटाले. तो निसरून पडलो. व्हांवत व्हांवत सकयले वटेन वचूंक लागलो. थंडायेक लागून हातपांयूय हालोवपाक जायनात जाले. ताजो ब्रिटीश इश्ट मोट्या कश्टांनी व्हाळार आयलो आनी ताणें व्हांवून वतल्या जवाहरलालाच्या दोंक्यांक धरून ताका ओडून वयर काडलो. अशे तरेन तो प्राणावयलो भिरांकूळ प्रसंग गेलो. कारण थंयच्यान फकत दोनतीन यार्डांचेरूच तो व्हाळ एके व्हडले धडेवयल्यान घोगो जावन खोल सकयल चरांत कोसळटालो.

सात वर्सांचो इंग्लडांतलो राबितो सोंपोवन आनी बॅरिस्टर जावन जवाहरलाल 1912 त भारतांत परतलो.

वकिलेंत मन लागना

शिक्षण सोंपोवन जवाहरलाल हिंदुस्तानांत परतलो तेन्ना हांगाचें राजकी वातावरण संथ, मंद आनी थंड जाल्लें. टिळक बंदखणींत आशिल्लो. फाळणी रद्द जाल्ल्यान बंगाल थंड पडिल्लो आनी स्वस्थ बशिल्लो.

1912 बांकीपूराक कॉंग्रेसीचें अधिवेशन जालें. जवाहरलाल थंय गेल्लो. पूण थंयचें एकंदरींत उर्बा नाशिल्लें वातावरण, व्हडा व्हडांचो पोको झेत आनी सामान्य लोकांची अनुपस्थिती पळोवन तो वाजेलो. ना म्हणल्यार

गोपाळकृष्ण गोखलेची तळमळ, कश्ट करपाची वृत्ती आनी उजूपण पळोवन जवाहरलालाचें ताजेविशीं बरें मत जालें.

पूण बांकीपूरच्या अधिवेशनान राजकारणांत नेटान उडकी घेवंची अशी प्रेरणा मात जवाहरलालाक जालिना. ताका लागून निर्शेल्ले मनास्थितिंतूच तो अलाहाबादाक येवन वकिली करूंक लागलो. पूण कितेंय नवें घडोवंक सोदपी क्रांतिशील मनाक तोय वेवसाय मानवना जालो. कायद्याचो तोच तो काथो, तेच ते विशय, भासाभास, तेच ते मनीस आनी भोंवतण हातूंत ताजें मन रोखडें उबगलें. जवाहरलालाच्या मतान राजकारण म्हणल्यार परकी सत्तेआड चलयल्ली चडायेची राष्ट्री चळवळ ! पूण अशे तरेचो वावर खंयच ताका दिसनाशिल्लो. कामगारांवयलो अन्याय, आफ्रिकेंतलो वर्णभेद अशा तेन्नाच्या प्रस्नांचेर वातावरण तापतालें आनी त्या वेळार जवाहरलाल तातूंत वांटो घेवन इल्लो कश्ट सोंसून वावर करी. थोड्याच काळांत पयलें म्हाझूज सुरू जालें. ताजो धग हिंदुस्तानांतूय पावलो. ल्हवू ल्हवू करून राजकारणाक चैतन्य येवंक लागलें. टिळक बंदखणींतल्यान सुटलो. ताणें आनी ॲनी बेझंट हिणें 'होमरूल-लीग' स्थापन केली. जवाहरलाल येवन तातूंत सामील जालो. राजकारणाक भार येतालो. इतल्यान बेझंट बायक अटक जाली. देसभर बोवाळ जालो.

जवाहरलाल कॉंगेसीचे कार्यावळींत वांटो घेवंक लागिल्लो. तातूंत दोन पंगड जाल्ले. एक तापट, जहाल जाल्यार दुसरो मोव, मवाळ. जवाहरलालाची ओड जहालांवटेन आशिल्ली. पूण बापूय मोतिलालाचो कल मवाळ. हाका लागून बापाय-पुतामदीं जायते फावटीं कडाक्याचीं झगडीं, वाद उपरासताले. पूण बापूय-पूत ह्या तांच्या नात्याक मात खंयच केन्ना बादा आयलिना. दोगूय जाण आपापलीं राजकी मतां एकामेकांचेर थापिनाशिल्ले. दोगांयच्या मनांत व्यक्तिस्वातंत्र्य, मतस्वातंत्र्य आनी लोकशाय हांचेविशीं खरेली तळमळ वसताली.

भौशीक काम, खाजगी जिवीत

सुरवातीच्या काळांत सभेमाजार येवन भाशणां दिवपाक जवाहरलाल टाळाटाळ करी. आपणाल्या पयल्याच जाहीर भाशणाची खबर सांगतना जवाहरलाल म्हणटा :

'अलाहाबादाक हांव पयलेच फावट जाहीर भाशण करपाक तयार जालों. ही चड करून 1915 तली खबर आसुंये. छापखान्यांचो आवाज बंद करूंक सोदपी कायद्याचो निशेध करपाखातीर ती सभा आशिल्ली. हांवें इल्लेंशेंच भाशण केलें आनी तेंय इंग्लीश भाशेंत. सभा सोंपतकूच तेजबहादूर सप्रून माचयेर येवन सगल्या लोकांसामकार म्हाका वेंग मारली आनी म्हाका चुमलो. हांव लजेन सामको पिठो कसो जालों.'

1916 हें वर्स म्हणजे जवाहरलालजीच्या जिवितांतलें नवें पर्व कशें. त्याच वर्सा दिल्ली शारांत वसंतपंचमी दिसा ताजें लग्न जालें. त्या वेळार जवाहर सत्तावीस वर्सांचो आशिल्लो. आनी व्हंकल कमला सतरा वर्सांची आशिल्ली. तें लग्न राजकुमाराच्या थाटामाटांत जालें.

लग्नाउपरांत थोडो काळ तांणी कश्मीरांत घालयलो. थंयचे सैमीक सोबीतकायेन जवाहलालाक भूल घाल्ली. कश्मीराविशीं ताणें बरयलां :

'कश्मीरांतल्या दऱ्या-खोऱ्यांनी म्हज्या मनाक इतली ओड लायिल्ली, रोखडोच परतो थंय वचपाचें हांवें थरयलें. कितले फावटीं बेत केले. भोंवडेच्यो येवजणो आंखल्यो. म्हजे उमळशीक वाडोवपी ते मानस सरोवर आनी शेजारचो हिममय कैलास हांचें दर्शन घेवपाचो म्हजो बेत आशिल्लो. तांचो विचार लेगीत मनांत आयल्यार मन उमेदीन भरून येता आनी भुरग्यांवरी नाचूंक लागता !'

19 नोव्हेंब्राक 1917 त तांचे अपुर्बायेचे इंदिरेचो जल्म जालो. लग्नाक लागून जशें ताज्या खाजगी जिवितांत मोडण घेतलें तशेंच ताज्या राजकी जिविताकूय एक नवी दिशा होलमली.

गांधीजीचो सांगात

1916 त नातालांच्या दिसांनी लखनौक कॉंग्रेसीचें अधिवेशन जालें. त्या अधिवेशनाक गांधीजी हाजीर आशिल्ले. गांधीजीकडेन ताजी ही पयलीच भेट. तेपयलीं गांधीजीन दक्षिण आफ्रिकेंत चलयल्ल्या खर आंदोलनाची खबर ताणें आयकल्ली. त्या सामान्याभायल्या, धीट मनशाविशीं जवाहराच्या मनांत उपाट आदर वसतालो. गांधीजी हिंदुस्तानांत आयिल्ले ते झुजपाची कार्यावळ घेवनूच. तरणाटो जवाहर गांधीजीचे विचारसारणेन सामको भारावलो. 1919 वर्सा रॉलेट कायद्यान ब्रिटीश सरकारान मान्याताय दिल्ल्यान गांधीजीन ह्या कायद्याआड सत्याग्रहाचें आंदोलन सुरू करपाचें थरयलें. परकी सत्तेचे जुलमी कायदे एकेक करून मोडपाचें सत्र सुरू जावपाचें आशिल्लें. ताका लागून बंदखणी भरून उडोवपाची धडक कार्यावळूय तातूंत आसपावली.

जवाहरलालजीच्या कुचंबल्ल्या मनाक, गांधीजीच्या सांगाताक लागून आनी विचारसरणेवरवीं एक नवी दिशा होलमली. ताका जिविताची नवी वाट मेळिल्ली. ताजे उर्बेक भरती आयिल्ली. सत्याग्रह सभेचो वांगडी जावपाचो निर्णय ताणें बेगोबेग घेवन उडयलो. ह्याच अदमासाक ब्रिटीश सत्तेन दडपशायेचें सत्र आडायल्लें. जालियानवाला बागेंतली कत्तल हो हे दमगनितीचो कळस आशिल्लो. ते घडणुकेन सगलो देश खवळ्ळो आनी वातावरण धवळून आयिल्लेवरी जालें. देशभक्त भयंकर संतापले.

मोतिलालजीचो सभाव नेमस्त. ताका लागून गांधीजीच्या मार्गाक ताजो विरोध आसलो. जवाहरलाल ते वाटेन वता तें पळोवन तांकां वायट दिसतालें. कारण गांधीजीचो मार्ग म्हळ्यार खडतर तपस्या, बंदखण, देहदंड भोगपाचो कश्टदायक मार्ग आशिल्लो.

जालियानवाला बाग हत्याकांडाचे घडणुके सावन मोतिलालजीचो गांधीजीकडेन दाट संबंद आयलो. जवाहरलालाप्रमाण ताजेरूय गांधीजीच्या व्यक्तिमत्वाची छाप पडिल्ली.

गांधीजीचे असहकार चळवळींत जवाहरलालावरी मोतिलालूय फुडेंच आशिल्लो. गांधीजीच्या सहवासांत येवन ह्या बापूय-पुताच्या जिवितांत भायर-भितर खूब फरक पडलो. खानदानी, चैनीचें जिवीत गेलें आनी सादें जियेवप सुरू जालें; घरांतले नोकरचाकर उणे जाले; गाडयो, घोडे आनी नव्या जिविताक गरजेभायल्यो अशो जायत्यो वस्ती तांणी विकून उडयल्यो. देसाखातीर तांणी फकिरी पत्करली.

बापूय-पूत स्वातंत्र्यसंग्रामांत

स्वरूपराणी आनी कमलादेवी बरीं ना जालीं म्हणून माय 1920 वर्साच्या अदमासाक जवाहरलालजी तांकां घेवन मसुरीक गेलो. त्याच सुमाराक ताजो शेतकारांचे चळवळीकडेनूय संबंद आयलो. प्रतापगड, रायबरेली आनी फैजाबाद जिल्ल्यांनी शेतकार चळवळीन उठाव केल्लो. जवाहरलाल खेड्यांतल्यान गेलो, शेतकारांबरोबर उलयलो आनी तांच्यो अडीअडचणी ताणें समजून घेतल्यो.

शेतकारांवांगडा भोंवून रावून जवाहरलालाक संवकळ जाली. आनी ताजो लजपी भिडेस्त सभाव बरोच बदललो. ताका हिंदी भाशेंतल्यान भाशणां दिवपाचीय संवय जाली. वतांत पावसांत भोंविल्ल्यान एके तरेची सोंशीकताय वाडली. मुखेल गजाल, ह्या देसांतले किसान जनतेचें जिवीत कितलें कश्टांचें, दुख्खी आनी दुसऱ्याचेर पातयेवन उरपी हाजी ताका पुरायेन कल्पना आयली. शेतकारांचें दळिद्र आनी हीण तरेचें जियेवप हांचो खोल छाप ताज्या मनाचेर पडलो. तांचे प्रस्न जवाहरलालाक कळूंक लागले आनी ताका लागून हिंदुस्तानांतल्या एका मुळसाच्या प्रस्नाचीच समजणी मेळ्ळी. ह्या म्हत्वाच्या प्रस्नाकडेन चड लक्ष दिवंक जाय हाजी खर जाणविकाय ताज्या मनाक जाली.

1920 त कलकत्त्याक कॉंग्रेसीचें अधिवेशन भरिल्लें. गांधीजीन ह्या अधिवेशनांत असहकाराची कार्यावळ दवरली. ह्या अधिवेशनासावन कॉंग्रेसीच्या

राजकारणाचेर गांधीजीचो प्रभाव पडपाक सुरवात जाली. गांधीजीक लागून कॉंग्रेसीचें स्वरूप बदललें. युरोपी तरेचो भेस वचून ते सुवातेर खादीचीं वस्त्रां आयलीं. कॉंग्रेसींत कनिश्ट आनी मध्यमवर्गी प्रतिनिधींचो चड भरणो आशिल्लो. भाशणांनी आतां हिंदुस्तानी भास प्रचारांत येवन इंग्लीशीचें म्हत्व उणें जावंक लागिल्लें. अधिवेशनांत नवें चैतन्य, नवी उर्बा आनी नवी तळमळ दिसपाक लागिल्ली.

असहकाराचे चळवळीन देसांत उमेदीचें वातावरण खेळटालें. उर्बेचें ल्हार पातळ्ळेलें. कायदे मंडळाचेर बहिश्कार घालपाची कार्यावळ येसस्वी जाल्ली. गांधीजीच्या फुडारपणाखाला चळवळीचें स्वरूप बरेंच सौम्य जाल्लें. पूण तातूंत एक तट्टटीत ताजेपण आनी जीवसाण आशिल्ली.

जनतेक तिजेभितर वसतले तांकीचो दिश्टावो जावंक लागिल्लो. ताका लागून सगल्याक स्वतंत्रतायेचें वारें खेळूंक लागिल्लें. सामान्य लोकूय मेकळेपणान चलताले. खेड्यापाड्यांतल्यान कॉंग्रेस, स्वराज्य, पंजाबाचें हत्याकांड, खिलाफत आदी उतरां आयकूंक येवंक लागिल्लीं. तांचेर भासाभास आनी चर्चाय जाताल्यो. त्या वेळावयली मनास्थिती वर्णितना जवाहरलाल एकेकडेन बरयता :

"आमच्यांत स्वतंत्रतायेची भावना जागी जाली आनी ते भावनेक लागून आमचो स्वाभिमानूय जागो जालो. गांजणुकेची आनी निर्शेणेची जाणविकाय साप ना नपश्चात जाताली. कानांतले कानांत फुतफुतपाची, अधिकाऱ्यावांगडा मोडणामोडणान, आडवळणान आनी कायद्याक भिंयेवन सांबाळून उलोवपाची गरज उरली ना. आमकां जें दिसना तें आमी मेकळ्या ताळ्यान आनी उकत्या आवाजान चारचवगांत भौसांत उलोवंक लागिल्ले. परिणामाची आमकां कसली भिरांत? बंदखणीचो आमकां कसलो भंय? आमकां थंय वचपाचें आसा हें आमी पयलींच पारखिल्लें. बंदवासाक लागून जाल्यार आमच्या वावराक आनिकूय पालव मेळपाचो आशिल्लो. आमचे भोंवतणी भोंवर मारपी आनी घुटमळपी जायते गुप्तहेर आनी पोलीस हांची वयल्यान

आमकां काकुळटूच दिसताली."

हे नवे जाणविकायेन देशांत परतेंय नवसंजिवन संचारिल्लेवरी जालें. लोकांमदलें निर्भयपण, स्वातंत्र्यलालसा आनी सुटकेखातीर केदोय त्याग करपाची तयारी पळोवन ब्रिटीश राज्यसत्ता भिंयेवन गेल्ली. घुस्पल्ल्या राजकारणाक अध्यात्माची जोड दिवपाची गांधीजीची पद्दत जवाहरलालाक खुबूच मानवली. ध्येयसिध्दीखीतीर ताजेकडेन वचपी मार्ग आनी विचार शुध्द आसचे, नैतिक नदरेन पवित्र आसचे, अशेंच जवाहरलालजीचें मत आशिल्लें. तो म्हणटा, "कमरांतल्यान बागोवपाचें आनी पोटाचेर सरकटत वचपाचें एक फावट थरयलें म्हणटकच मार्ग ताकतिकेन आनी स्वाभिमानासयत कसो हुपूं येता?"

1921 हें वर्स अशे तरेन धुमश्चक्रेचें गेलें. राष्ट्री जीण धवळून गेली. परकी सत्तेआड जनमत संघटीत जालें. तें वर्स सोंपपाच्या अदमासाक 'प्रिन्स ऑफ वेल्स' हिंदुस्तानांत येवपाचो आशिल्लो. ब्रिटीश सरकारान ताज्या येवकाराची तयारी चलयल्ली. पूण कॉंग्रेसीन ताज्या सत्काराच्या सगल्या कार्यावळीचेर बहिश्कार घालपाचें थरयल्लें.

ब्रिटीश सरकार आनी कॉंग्रेस हांचेमदलें झगडें आतां सामकें अटळ आशिल्लें. सरकारान दडपशायेचो मार्ग आपणावपाक सुरवात केल्ली. तें थळाव्या फुडाऱ्यांक धरून बंदखणींत घालीत आशिल्लें. कॉंग्रेसीन बहिश्काराची कार्यावळ आनीक खर करपाखातीर स्वयंसेवी पथकां उबारलीं. अलाहाबादाकूय अशा पथकाची निर्मिती जाली. तातूंत मोतिलालजीचें नांव सगल्यांत वयर आशिल्लें. जवाहरलात सगल्या संघटणांचो अग्रणीच आशिल्लो. तांकां रोखडीच अटक जावन तांची बंदखणीत रवानगी जाली. बापूय-पुताक बिटीशांच्या न्यायालयान स-स म्हयन्यांची ख्यास्त फर्मायली आनी तांकां लखनौचे बंदखणींत व्हेले.

एक पावल बंदखणींत, दुसरें भायर

1922 वर्साच्या मार्चांत अचकीत जवाहरलालजीची बंदखणींतल्यान सुटका जाली. ताजे ख्यास्तीक तशे तिनूच म्हयने जाल्ले. पूण पुनर्चवकशेच्या वेळार ती रद्द जाली. सुट्टकूच जवाहरलालजी गांधीजीक मेळपाक अहमदाबादेक गेलो. पूण थंय पावचेपयलींच गांधीजीक भितर उडयल्लो. परदेशी लुगट बहिश्कार चळवळीक लागून जवाहरलालजीक सरकारान परत मे 1922 त अटक केली.

अशे तरेन जवाहरलालजीचें जिवीत अर्दें बंदखणींत जाल्यार अर्दें भायर अशें चालूच आशिल्लें. 1923 त ताची सुटका जाली. नाभा ह्या पंजाबांतल्या संस्थानांत शिखांच्या 'जैतो' ह्या धार्मीक उत्सवाचेर बंदी आयिल्ली. ती मोडपासंबंदान ताजेर अटक वॉरंट आशिल्लो. ताका धरलो पूण पंदरा दिसांभितर ताका सोडून घालो.

जवाहरलालजी रोखडोच अलाहाबादेंत दाखल जालो. थंय तो अलाहाबाद नगरपालिकेचो अध्यक्ष जालो. हें पद ताणें दोन वर्सां चलयलें. लोकशाय चालीक लावपाचो पयलो वयलो अणभव ताणें हांगाच मेळयलो. ह्याच अदमासाक तो अखिल भारतीय कॉंग्रेसीचो चिटणीस जाल्लो. मौलाना महंमद अली कोकोनाडा 1913 त कॉंग्रेसीचो अध्यक्ष आशिल्लो. ताजोच चड आग्रो जालो म्हणून नेहरून चिटणीसपद घेतलें.

परतून युरोप भोंवडी

1926 च्या मार्च म्हयन्यांत कमलादेवीची तब्येत अकस्मात बरी ना जाली. वखद उपचाराखातीर तिका स्वित्झरलंडाक व्हरचें अशें दोतोरान सांगलें. देखून जवाहरलालजी बायल आनी धूव इंदिरा हांकां घेवन वॅनीसाक गेलो.

वॅनीसांत सुरवातेचे कांय दीस बायलेची भलायकी पळोवपांत गेले. ह्याच

काळांत जवाहरलालजीकूय इल्लो सुशेग मेळ्ळो. बर्फावयलें स्केटींग, वाचचें, भोंवचें हातूंत मजेंत वेळ गेलो. ह्याच प्रवासांत हिंदुस्थानांतल्यान राजकी निर्वासीत जावन आयिल्ले जायते हिंदी लोक जवाहरलालाक मेळ्ळे. तातूंत वीरेन्द्रनाथ चट्टोपाध्याय, मादाम कामा, एमएन राय हे प्रमुख आशिल्ले. राजकी मनशांभायर रोमां रोलां, अर्स्ट टाकर, रोजर बाल्डवीन आदी तत्वज्ञ आनी बरोवपी हांचेकडेनूय नेहरूची वळख जाली.

जवाहरलाल युरोपांत आसतनाच इंग्लंडांत भौशीक संप सुरू जालो. संपाची खबर आयकून जवाहरलालजीच्या मनांत खवदळ जाल्लो. संपावयल्या कामगारांनी तांची मर्जी संपादिल्ली. संप विरजलो तेन्ना ताका स्वताचेंच कितेंय लुकसाण जाल्लेवरी वायट दिसलें. इंग्लडांतल्या राबित्यांत खण भागांत तो भोंवाडो मारून आयलो. संपाची परिस्थिती आपल्या दोळ्यांनी पळोवन आनी कश्टकरी वावराड्यांवयल्या अन्यायान ताजें काळीज हाललें.

समाजवादाच्या विचारांची ती फांतोड आशिल्ली. रशियी राज्यक्रांतीक लागून साम्यवादाचो गवगवो सगल्याक गाजतालो. जवाहरलालजीच्या मानवतावादी, समतावादी मनाचेर हाजो प्रभाव पडलेबगर कसो रावत?

1926 च्या अदमासाक ब्रुसेल्सांत जिखिल्ल्या राष्ट्रांची परिशद भरिल्ली. तांणी एकवटान कांय कामां आनी कार्यावळी आंखच्यो आनी त्यो चालीक लावंच्यो अशी हे परिशदेची मुखेल कल्पना आशिल्ली. जावा, इंडो-चायना, पॅलेस्टायन, सिरिया, इजिप्त ह्या देशांचे आनी उत्तर आफ्रिकेंतल्या अरबांचो आनी आफ्रिकेंतल्या खाप्री लोकाचो प्रतिनिधी म्हणून जवाहरलाल ते परिदेशीक हाजीर रावलो. तेभायर मजूर चळवळींत मुखेलपणान वांटो घेवपी आनी साम्यवादी विचारांचे जायते लोक थंय एकठांय जाल्लो. तांचें वळखीन तांचेलागीं भासाभास करून आनी परिशदेंतल्या भाशणांक लागून समाजसत्तावादी विचारांचो प्रभाव जवाहरलालजीच्या मनार पडलो.

मोतिलालजी स्वता 1927 वर्सां युरोपाक गेलो. ताजेवांगडा जवाहरलालजीन सोविएत रशियेक भेट दिली. ही भोंवडी धांवती आशिल्ली

पूण तितल्यानूय नवे रशियेचें दर्शन जवाहरलालजीक जालेबगर रावलेंना. थंयचे येवजणबद्द आनी राशीर येवन केल्ले यत्न हांची जवाहरलालाक चड तोखणाय दिसली. घडये हाचोच परिणाम म्हणून हिंदूस्थानांत परत येतकूच जवाहरलाल मजूर चळवळींत चड आवडीन लक्ष घालूंक लागलो आनी ताणें ट्रेड युनियन कॉंग्रेसीचें अध्यक्षपद स्विकारलें. युरोपांतल्यान परतो येतकूच जवाहरलालजीन परतूय कॉंग्रेसीच्या राजकारणांत वांटो घेवपाक सुरवात केली.

सायमन कमिशनाचेर बहिश्कार

सायमन कमिशनाची चळवळ त्या काळार बरीच गाजली. ह्या कमिशनाचेर पुरायेन बहिश्कार घालपाचो उलो कॉंग्रेसीन मारिल्लो. जवाहरलाल परत एक फावट कॉंग्रसीचो सरचिटणीस जाल्लो. ताणें देसभर भोंवडी केली, जायत्या प्रांतांनी परिशदो घेतल्यो. नेहरून तळमळीन तातूंत वांटो घेवन मार्गदर्शन केलें. कामगारां प्रमाण विद्यार्थी वर्गाकडेनूय ताजें लक्ष आशिल्लें. तरणाट्यांच्यो संघटणा ताणें बांदिल्ल्यो. तांच्या अधिवेशनांनी अध्यक्ष ह्या नात्यान जवाहरलालान मनापसून वांटो घेतलो.

सायमन कमिशनाक नेटान विरोध करपाखातीर कॉंग्रेसीन फुडाकार घेवन एक सर्वपक्षी परिशद घेवपाची कल्पना फुडें आयिल्ली. तातूंतल्यानूच फुडें मोतिलालजीचे अध्यक्षतायेखाला हिंदुस्तानाच्या स्वराज्याची रूपरेशा तयार करपाखातीर एक कमिटी घडली. हे कमिटीन जो रिपोर्ट तयार करून दिलो तोच तो नामनेचो 'नेहरू रिपोर्ट' हिंदुस्तानाच्या सुटकेझुजांतलें एक म्हत्वाचें पर्व म्हणून वळखतात. ब्रिटीशांच्या गुलामपणांतल्यान देशाची सुटका करून संपूर्ण स्वातंत्र्य मेळोवप हें जरी भारती जनतेचें ध्येय आसलें तरी तत्पुरतें 'वसणुकेचें स्वराज्य' ह्या रिपोर्टावरवीं भारती फुडाऱ्यांनी ब्रिटीशांकडेन मागिल्लें.

मजा म्हणल्यार अशे तरेचें मिळमिळीत स्वातंत्र्य मेळोवपांत

वाहरलालाक उमेद नाशिल्ली. ताजे तरणाटे इश्ट्रूय अशेंच येवजिताले रण जवाहरलालजी संपूर्ण स्वातंत्र्याक तेंको दिवपी आशिल्लो. ताका गून मोतीलालाआड जवाहरलाल अशें एक विचित्रशें चित्र त्या रिपोर्टाच्या मतान लोकांक दिसलें. पूण खरेपणीं हें बापाय-पुता मदलें खासगी वा गुती झगडें म्हणपासारकें नाशिल्लें. तो एक नवे-पोरणे पिळगेमदलो भावीक मतभेद आशिल्लो. पूण मातसो खर, इतलेंच कितें तें.

सायमन कमिशनाचेर बहिश्कार घालपाची कार्यावळ देसभर जैतवंत रपाची खटपट स्वातंत्र्यवादी तरणाटे जवाहरलालजीच्या फुडारपणाखाला टे उमेदीन करूंक लागिल्ले. स्वता जवाहरलालजीन लखनौक 'सायमन मिशन गो बॅक' अशो घोशणा दीत आपल्या फुडारपणाखाला एक मोर्चो शनाकडेन व्हेलो. पुलिसांनी मोर्चो आडावन लोकांक धांवडावपाखातीर ठीहल्लो केलो. जवाहरलालजीकूय इल्लो मार खावंचो पडलो. तो धिटायेचो ीस हाललो पूण पडलोना. दुखवलो पूण बागवलोना. दुसऱ्याय दिसा असोच र्वो, लाठीहल्लो आनी जवाहरलालजीकूय तडाखो. ह्या आंदोलनान वाहरलालजीक खूब म्हत्वाचो अणभव मेळ्ळो.

होर कॉंग्रेस अधिवेशान

जवाहरलालजीन संपूर्ण स्वातंत्र्य हें हिंदी स्वातंत्र्यझुजाचें अंतीम ध्येय सगल्यांत पयलीं कॉंग्रेसी मुखार नेटान मांडलें. अखिल भारतीय कॉंग्रेस मिटीचे 1928 वर्साचे बसकेंत आपणालो थारावूय ताणें पास करून घेतलो. णें 'इंडिपॅण्डॅन्स इंडिया लीग' नांवाची संस्था काडली आनी आपूण तिजो चिटणीस जालो.

नेहरू-रिपोर्ट वसणुकेचें स्वराज्य काय संपूर्ण स्वातंत्र्य, कायदे मंडळांत श करचो काय ना अशा जायत्या प्रस्नांवयल्यान कॉंग्रेसीच्या पंगडांभितर ांभेद आसतनाच 1929 हें वर्स उजवाडलें. त्या वर्सा लाहोराक कॉंग्रेस धिवेशन जालें. पंजाबांत धा वर्सांनी हें अधिवेशन जाल्लें. ते पयलींच्या

म्हणल्यार 1928 वर्साच्या कलकत्ता अधिवेशनांत मोतीलाल नेहरू अध्यक्ष आशिल्लो आनी म्हत्वाचो योगायोग म्हणजे 1929 च्या अधिवेशनाचो अध्यक्ष जालो जवाहरलाल. बापायकडल्यान पुताकडेन अधिकारसुत्रां वचपाचो इतिहासीक म्हत्वाचो दीस. ते आपणाले अध्यक्षीय निवडीच्या संदर्भांत जवाहरलाल बापायविशीं बरयता.

'वेंचणुकेचो निकाल आयकून खरेली उमेद कोणाक जाली आसत जाल्यार ती दादूक (जवाहरलाल आपल्या बापायक दादू म्हणटालो). म्हजें राजकारण ताका मातूय आवडनासलें जाल्यारूय म्हजेर ताजो पुराय मोग आशिल्लो. म्हजें कितेंय बरें जाल्लें पळोवन ताजें मन खोशयेन उपाट भरतालें. म्हजेर तो खूब फावटीं टिका करी आनी तोडून उलयतालो. पूण कोणाकूय जर दादूची मर्जी राखपाची आसत जाल्यार ताणें ताज्या तोंडार म्हजी निंदा करपी एक लेगीत उतर ना काडपाची जतनाय घेवंक जाय आसताली. बापाय फाटोफाट चलो अध्यक्षपदार येवप ही घडणूक हेपयलीं केन्नाच जावंक ना. हांव अध्यक्ष जालों तेन्ना म्हाका चाळिसावें वर्स सोंपून एकेचाळिसावें लागिल्लें.

लाहोर कॉंग्रेसीचें अध्यक्षपद जवाहरलालजीक मेळचें म्हणून गांधीजीनूय आपलें वजन खर्ची घालें. जवाहरलालजीची खर देसभक्ती आनी कळकळीची ताका खात्री आयिल्लीच. तेच बराबर जवाहरलालजीच्या विवेकपूर्ण, विचारी फुडारपणाविशीं कसलोच दुबाव नाशिल्लो. देखुनूच तो स्फटिकावरी शुध्द आसा, ताज्या उजूपणाविशीं दुबावूच ना, राष्ट्राचो फुडार ताज्या हातांत सुखरूप आसा हे गांधीजीन त्या वेळार काडिल्ले उद्‌गार फुडाराक खरे थरपाचे आशिल्ले.

रावी न्हंयच्या कांठार भरिल्ले ते कॉंग्रेसींत अध्यक्ष जवाहरलालजीन संपूर्ण स्वातंत्र्याचो थाराव मांडलो आनी तो निर्णायक रितीन पास जालो. भारताचे स्वातंत्र्य चळवळींत एका नव्या अध्यायाक सुरवात जाली. आतां ध्येयाचे वाटेवयलें धुल्ल-धुकें, दुबाव बी पयस जाल्ले. सगल्यो दिशा नितळ

जावन उजळ्ळ्यो; उजवाडाची वाट दिसूंक लागली.

फुडें अठरा वर्सांनी 1947 त स्वातंत्र्याचो मंगल कलश घेवन येवपाचें भाग्य ह्याच जवाहरलालाक मेळपाचें आशिल्लें. इतिहासान हीय गजाल ह्या म्हापुरसाविशी खरी करून दाखयली.

' चले जाव ' आंदोलनांत उडकी

1942 वर्स उजवाडलें, गांधीजीन ब्रिटीशांक शिटकायले. 'चलूंक लाग'! (चले जाव)

मुंबयच्या गोवालिया टँक मैदानाचेर 7-8 आगोश्ताक अखिल भारतीय कॉंग्रेस कमिटीची बसका भरिल्ली. जवाहरलालजीन 'चले जाव' चो इतिहासीक थाराव मांडलो. गांधीजीन 'करेंगे या मरेंगे' हो संदेश दिवन थारावाक तेंको दिलो.

तेन्नाचें ब्रिटीश सरकार चवताळ्ळें. गांधीजीसयत सगल्या फुडाऱ्यांक धरून बंदखणींत घाले. ही गजाल णव आगोश्ताचे रातीकडेन घडली. जवाहरलालजीक धरून अहमदनगरच्या किल्ल्यांत दवरलो. ताजेवांगडा कॉंग्रेस वावुरपी समितीचे हेर वावुरपीय आशिल्ले.

फुडाऱ्यांक धरिल्ल्यान देशांतले लोक खुबळ्ळे; चले जाव' चो नाद देशाच्या खांची कोनशांतल्यान घुमपाक लागलो. भूंयगत चळवळ संघटीत जावंक लागली. रेल्वे, पोस्ट खातें, सरकारी कचेऱ्यो, पुलीस ठाणें आदी परकी सत्तास्थानांचेर खुबळिल्ल्या लोकांनी घुरयो घाल्यो. लाठीमार, फार पेटोवप ह्या गजालींक हुंवार आयिल्लो. बायलो, दादले, विद्यार्थी बी करेंगे या मरेंगे ह्या नेटान झुजूंक लागले. बंदखणी भरून गेल्यो आनी कैद्यांक सुवात उणी पडपाक लागली.

जवाहरलालजी अहमदाबादेच्या कोटांत बंदखण भोगतालो. त्याच काळांत ताणें 'भारताचो सोद' (डिस्कवरी ऑफ इंडिया') हो मोलादीक ग्रंथ बरयलो.

भारताक स्वातंत्र्य

15 आगोश्त 1947 हो भाग्याचो दीस उदेलो. देशाच्या कपलांतली बंदखणीची जीण सोंपली. भारत देस स्वतंत्र जालो. जवाहरलाल नेहरू भारताचो पयलो प्रधानमंत्री जालो. अधिकाराचीं सुत्रां हातांत घेतना ताणें म्हणलें :

'जायत्या वर्सांसावन आमी आमच्या फुडाराविशीं एक सपन, एक ध्येय थरयल्लें. आज तें ध्येय साध्य करपाखातीर घेतिल्ल्या सोपुताचो पुनरुच्चार करपाचो वेळ आयला. आमचें सपन वास्तवांत उबें जातनाच नवे जापसालदारकेची जाणविकाय बाळगुचेली आज गरज आसा. आज मध्यानरातीर अख्खो संवसार घडये न्हिदला आसत. अशा वेळार भारतांत स्वतंत्रतायेचो उदय जावन नवें चैतन्य भारताक मेळटलें. लांब काळाच्या चेपणापोंदा उरिल्ल्या राष्ट्राक जागें करपी एका युगाची समाप्ती जावन नवें यूग सुरू करपी असो हो दीस राष्ट्राच्या इतिहासांत क्वचितूच केन्नाय उदेता. तो दीस आतां भारताच्या इतिहासांत उदेतलो. अशा ह्या मंगल प्रसंगाचेर भारतीय जनतेची आनी तेपरस व्हड अशे मनीसकायेची सेवा करपाचो आयज आमी सोपूत घेवया आनी वावराक लागुया".

हे प्रतिज्ञेक जागून ह्या व्हड राष्ट्रपुरसान आपणाल्या जिविताचे अखेरमेरेन देशाची सेवा केली. भारताक मेळिल्ल्या स्वराज्याचें सुराज्यांत रुपांतर करचेपासत एकूच ध्यास घेवन तो अखेरमेरेन वावुरलो. ताज्या मनांत सदांच एकूच गजाल वसताली. भारत आनी भारतीय जनतेचें हीत आनी कल्याण.

उजवाडाचो दूत, शांततायेचो भक्त

जवाहरलालजीक सुटकेची म्हानताय कळिल्ली. ताका लागून भारताच्या स्वातंत्र्याखातीर ताणें येदो त्याग केलो, बंदखण भोगली आनी कश्ट उसपिले. पूण भारतावांगडाच हेर ल्हान-ल्हान देस गुलामपणांत आशिल्ले. तांकांय

मुक्त करपाखातीर भारतान फुडारपण घेवचें अशें तें मानपाक लागलो आनी ते दिशेन ताणें वावरूय केलो. हेर धाकल्या देशांच्या सुटकेझुजांक ताणें सदांच पालव दिलो; तरेतरेन तेंको दिलो. चड करून आफ्रिकेच्या देशांतली गुलामगिरी ताज्यान पळोवं नजो जाल्ली. ह्या मुक्त जावंक सोदपी देशांतले जनतेक जवाहरलाल नेहरू म्हणल्यार एक धीर, आदार आनी आशेचो किरण अशेंच दिसतालें.

देशाच्या तारवाचो धीट कप्तान

भारत स्वतंत्र जालो पूण वांगडाच कांय वायट गजाली आनी संकश्टांय देसामुखार उबीं रावली. देशाची विभागणी जाली आनी पाकिस्तानाची निर्मिती जाली. हिंदू-मुसलमानांच्या दंग्यांनी उग्र, भिरांकूळ रूप घेतलें. बंगालांत नोआखालीचें हत्याकांड जालें. लाखांनी निर्वासीत पाकिस्तानांतल्यान भारतांत आयले. ह्या दुख्खी कश्टी भावांचें पुनर्वसन, देशाची शेतीसंबंदी आनी उद्देगीक उदरगत, स्वातंत्र्याची राखण, भलायकी, नवरचनेची बुन्याद, शिक्षण, अन्नधान्य, आलाशिरो, कला आनी संस्कृती हांचो विकास अशो कितल्योशोच नव्यो समस्या आनी नवीं कामां स्वतंत्र भारतामुखार उबीं आशिल्लीं. खूब खूब करपाचें आशिल्लें. अशा वेळार जवाहरलालजीच्या नेतृत्वगुणाचो खरो कस लागलो.

प्रधांनमंत्रीपदाची कारकीर्द

जवाहरलालजीन स्वातंत्र्याचो सुपुल्लो रोंपो प्राणपणान सांबळ्ळो. ताजेसारकिलो खंबीर, कणखर आनी लोकशायनिश्ट मनीस प्रधानमंत्री म्हणून मेळप हें देशाचें भाग्य म्हणूंक जाय.

प्रधानमंत्री जायनाफुडें जवाहरलालजीन बऱ्यो बऱ्यो चालीरिती आपणायल्यो आनी त्यो वाडीक लायल्यो. देशाक संवसारभर मान मेळोवन दिलो. भारताची मान सगल्यांक ऊंच केली. भारताचें प्राचीनत्व, भारताची संस्कृताय,

सर्वधर्म समभाव, सर्वसमावेशताय, भारताचें पोरणें दायज ह्या सगल्यांची ताणें जोपासना केली.

थोड्याच काळाभितर 'भारत म्हणजे जवाहरलाल' अशें समीकरण जालें. ह्या अपुर्बायेच्या म्हान फुडाऱ्यान आपणाले मोगाळ मायभुंयेखातीर जातालें तें सगलें सगलें केलें आनी भारतीय जनतेनूय आपणालो मोग, आदर, आपलेपण हांचो पावस सदांच ताजेर घालो.

सेगीत सतरा वर्सां भारतीयांनी आपणालो लाडको फुडारी म्हणून जवाहरलालजीक कौल दिलो. देशाची उदरगत जावंची म्हणून जवाहरलालजीन दिसांतलीं अठरा अठरा वरां मान मोडून काम केलें. हिसपाभायर श्रम केले. कश्ट सोंसले. सतरा वर्सांची ताजी प्रधानमंत्रीपदाची कारकीर्द म्हणल्यार भारताच्या पनुरुत्थानाचो इतिहासूच म्हणूं येता.

नियोजन युगाचो प्रवर्तक

सुटकेझूज चालू आसतना लेगीत जवाहरलालज़ी सदांच समृध्द भारताच्या फुडाराचींच सपनां पळयतालो आनी तांचेर येवजीत आसतालो. युरोपांतल्या कांय देशांनी येवजणबद्द रितीन स्वताचो अर्थीक विकास करून घेतिल्लो. ताजी छाप जवाहरलालजीच्या मनाचेर आशिल्लीच. भारताक हो नियोजनाचो विचार सामको नवो आशिल्लो. जवाहरलालजीन आपूण कॉंग्रेसीचो अध्यक्ष आसतना अखिल भारतीय कॉंग्रेस कमिटीचे कचेरेंत एका अर्थीक प्रस्नाकडेन लक्ष दिवपी आनी दुसरो विदेशी राजकारणाचो विचार करपी अशे दोन खास विभाग उगडिल्ले. कॉंग्रेसीन येवजिल्ल्या हंगामी विकास येवजणांचो जवाहरलाल अध्यक्ष आसलो.

भारताचे सुटकेउपरांत वयल्या दोनूय गजालींचेर ताणें चड नेट दिलो. ते नदरेन भारताक नियोजनपूर्ण उदरगतीची नदर दिवपी आनी आंतरराष्ट्री घडणुकांनी स्वतंत्र बुद्दीन वागपाची शिकवण दिवपी जवाहरलालजी एक व्हडलो आनी फुडार पारखुपी मनीस आशिल्लो हातूंत दुबावूच ना !

जवाहरलाल जितो आसतना भारतान तीन पांच वर्सुक्यो येवजणो चालीक लायल्यो. तिसरे येवजणेचो उरिल्लो वांटो चालू आसतना आनी चवथेचो आराखडो तयार करता आसतनाच जवाहरलाल संवसाराक अंतरलो. पूण देसाचो सर्वांगीण भौतीक विकास करपाक ताणें दिल्ली उमेद आनी उर्बा राष्ट्राक सदांखातीर स्फूर्त दिवपीच थरली.

जवाहरलाल म्हणल्यार 'नियोजन युगाचो प्रवर्तक' आशिल्लो. स्वातंत्र्या उपरांत नवनिर्मितेचें जें काम जालें, जे व्हडले कारखाने उबे जाले, जी धरणां बांदप जालें त्या स्थानांक ताजे नदरेन तीर्थस्थानांचें म्हत्व आशिल्लें.

ताणें एकेकडेन म्हणलां :

'एक गजाल सदांच मतींत धरात. भारताची उदरगत जाताशी दिसता जाल्यार ती भारत सरकार मोटें हुशार आसा म्हणून जाता अशें न्हय. जाल्यार भारतीय जनता कुशळ सुत्रधार जाल्या म्हणपाचीच ती कुरू'.

जवाहरलालजीन देशाच्या फुडाराचो हुसको काडलो. दोन म्हाझुजांनी पिडिल्ल्या संवसाराक शांततायेची थाकाय ताणेंच दिली. जायते फावटीं अणूझुजाच्या हुंबरामेरेन गेल्ल्या जगाक ताणें आपणाली पत खर्चून वाटायला भारतान आपणाल्या विदेशी धोरणांत अलिप्तताय आपणायली. आनी देखुनूच राष्ट्रा राष्ट्राच्या घरच्या झगड्यांभितर निपक्षपातीपणान सत्याची वट उखलून धरली; शांतताय, मनीसकाय आनी स्वतंत्रताय ह्यो गजाली नश्ट जावंक दिल्योनात.

आगळीक करपी हुकूमशाय, धर्मांधताय, विखारी जातीवाद, संकुचीत राष्ट्रवाद, नाकाशिल्लो कल्पनाविलास, लाचारी, दारिद्र्य आनी आळसाय हांचो नेहरून सदांच धिक्कार केलो. फाटी पडिल्ल्या देशांच्या कल्याणाचो हुसको ताणें सदांच केलो. आफ्रो-आशिया एकवटाची ताका खाशेली आस आशिल्ली. 1947 च्या मार्सांत दिल्लींत जाल्ले आशिया संबंदीत परिशदेंतूच ताणें ही आस परगटायल्ली. उपरांत 1955 त बांडुगांत (जावा) वेगळ्या वेगळ्या मतप्रणालींच्या आफ्रो-आशियी राष्ट्रांक एकठांय हाडून संवसारीक

शांततायेचे नदरेन ताणें खूब व्हडलें पावल घालें.

'पंचशील' ही जवाहरलालजीन अख्ख्या संवसाराक दिल्ली मोलादीक देणगी. पंचशील आपणावप म्हणजे राष्ट्रा राष्ट्रांत निर्भयपण, शांतताय, सहकार आनी सहजिवनाची खात्री, एकामेकांचें सार्वभौमत्व मानून घेवन एकामेकाच्या अंतर्गत कारभारांत धवळाधवळ करप ना म्हणपाचें उतर दिवप.

भारताचो प्रधानमंत्री ह्या नात्यान जवाहरलालजीन संवसारांतल्या लागींलागसार सगल्या देशांनी भोंवडी केली. थंयचे जनतेन आपखोशयेन आनी अमाप उर्बेन ताका हुनहुनीत येवकार दिलो. कोणाय सम्राटाक लेगीत मेळचीना अशे तरेची जनतेची भक्ती, मोग आनी तोखणाय जवाहरलाल गेलो थंय थंय ताका मेळळी. ताचे नामनेक शीम-मेर नाशिल्लीच म्हणल्यार जाता.

युनोंतलो आवाज

युनो हे संवसारीक संघटणेविशीं ताका खूब आस्था आशिल्ली. 3 फेब्रेर 1948 दिसा आनी परतून 1956 आनी 1961 त ताजें युनोचे आमसभेमुखार भाशण जालें. संवसारीक शांतताय आनी खंयच्याय स्वरुपांतल्या वसणूकवादाचो शेवट ह्या प्राणप्रिय तत्वाचो ताणें पुरस्कार केलो. 1960 त युनो आमसभेच्या अधिवेशनांत भारती शिश्टमंडळाचो फुडारी म्हणून तो थंय गेल्लो. अमेरिका आनी रशिया हांणी आपलेभितल्लो दुस्वास उणो करचो, शीतयुध्द सोंपोवंचें आनी इश्टागतीचे संबंद परतेय तांचेमदीं प्रस्थापीत जावंचे अशी विनंती करपी थाराव ताणें थंय हाडिल्लो. 1961 त बॅलग्रेडांत भरिल्ले अलिप्त देशांचे परिशदेंत ताणें व्हडली म्हत्वाची कामगिरी केली. ह्या सगल्या प्रयत्नांक लागून संवसारीक नामनेचो एक शांततायवादी फुडारी म्हणून ताजी कीर्त फांकारली. पददलीत राष्ट्रांक ताजो खूब धीर आनी आदारसो दिसतालो.

आतांमेरेन अख्ख्या संवसारान ताका खूब वाखाणिल्लो आनी तरातरांनी ाजो भोवमान केल्लो. घरच्याच लोकांनी आनी ताज्याच देशाकडल्यान ाजो व्हडलो भोवमान करपाचो वेळ आयिल्लो. भारताच्या राष्ट्रपतीन 15 ुलय 1955 दिसा 'भारतरत्न' ही सर्वश्रेश्ट पदवी दिवन ताजो भोवमान कलो.

ृसीकराज नेहरू

शांतताय आनी भौतीक विकास ह्या गजालींइतलोच कला, संस्कृताय आनी विज्ञान ह्या गजालीविशीं ताका खूब ओड आशिल्ली. स्वता तो एक ऱ्यांतलो वक्तो आनी लेखक आशिल्लो. बंदखणींतल्यान ताणें आपणाली ूव इंदिरा हिका बरोवन धाडिल्ली पत्रां साहित्याचो बऱ्यांतलो बरो नमुनो. ंदखणीतूच ताणें बरयल्ली 'ग्लिम्पसीस ऑफ वर्ल्ड हिस्टरी' 'डिस्कवरी ऑफ इंडिया' आनी आत्मचरित्र हीं भारतीय इंग्लीश साहित्यांत अजरंवर ाल्यांत.

विज्ञानीक दृष्टिकोन भारताक दिलो जाल्यार तो नेहरूनूच. 'विज्ञान' हें जेविताचें म्हत्वाचें आंग आसता अशें तो सदांच म्हणटालो. भारतीय विज्ञान रिशदेचें ताणें दोन फावटीं उद्घाटन केलें आनी विज्ञानाचें म्हत्व पटोवन देलें. साहित्य आनी कलांच्या विकासाखातीर ताणें जाणविकायेसयत प्रयत्न कले. भारतीय साहित्य अकादेमीची स्थापणूक ताजेच प्रेरणेन जाल्ली आनी ोच तिजो अध्यक्ष आशिल्लो.

ोकशायेचो भक्त

लोकशायेचेर नेहरूची पुराय श्रध्दा आशिल्ली. ताजें जिवितूच म्हळ्यार ोकशायेचो एक बऱ्यांतलो बरो नमुनो. स्वातंत्र्याउपरांत धर्मातीत राज्याचो योग ताणें चालीक लायलो. सगल्या धर्मांविशीं सोंशीकपणाचें धोरण ापणायलें. धर्माविशीं ताजो दृष्टिकोन असो आशिल्लो : 'सगले धर्म, पंथ,

दर्शनां हांचेविशीं आपलेपण आनी सोंशीकताय होच म्हजो धर्म. संवसारांतल्यो सगल्यो बऱ्यो आनी सोबीत गजाली तसोच सैम हांची देवाभाशेन पुजा करपी प्राचीन मुर्तीपुजकांभाशेन सादारणसो म्हजो सभाव.

ह्याच सभावाक लागून ताणें कट्टर धर्ममार्तंडाची भुमिका केन्ना घेतली ना. देखुनूच भारतांतल्या अल्पसंख्यांकांक ताज्या आलाशिऱ्याखाला सदांच सुरक्षीतताय दिसताली. 'आमी इतिहासाचे दूत' अशे भावनेन ताणें दरेका प्रस्नाकडेन सखोल आपलेपणान पळयलें. इतिहासाचोय तो एक अभ्यासक आशिल्लो. ताणें इतिहास चिंतनासयत अभ्याशिल्लो आनी जाणीवपूर्वक घडयल्लो.

ताज्या विचारांची बसका खूब आशीकुशीक आनी लांबरूंद आशिल्ली. सगल्या गजालींक ती आफुडटाली. ताका लागून जायते फावटीं तो लागींच्या गजालींपरस पयशिलेंच चड पळयता असो लोकांचो अपसमज जातालो. पूण ताज्या दृष्टेपणाक लागुनूच ताजो भाशावार प्रांतरचनेक विरोध आशिल्लो. पूण कांय खेपे खरेल्या लोकशायवादी तत्वाक धरून ताका नमतें घेवंचें पडटालें. भोवमताच्या निर्णयामुखार बागोवंचें पडटालें. संयुक्त महाराष्ट्राच्या वेळार हाजो अणभव सगल्यांनी घेतिल्लो. जवाहरलालजी हाडाचो लोकशायनिश्ट आशिल्लो देखुनूच तो हुकूमशाह जावंक पावलोना. ना जाल्यार हुकूमशाह जावपाक गरजेची परिस्थिती तेन्ना सामकी लागीं हाताकडेनूच आशिल्ली. तिजो गैरफायदो ताज्यान सहज घेवं येतालो. लोकांच्या मनाचेर ताजी घट्ट पकड आशिल्ली. जायते फावटीं तो तिडकतालो; तापतालोय. केन्ना केन्ना कठोर उतरांय वापरतालो. पूण तेफाटलो हेत सामको शुध्द आसतालो. तो तिडकतालो क्षुद्रपणाचेर, रोगी मनोवृत्तीचेर आनी वायट कर्तुबांचेर.

सतरा वर्सांचे ताजे प्रधानमंत्रीपदाचे कारकिर्दींत ताका खर मानसीक धक्के दिवपी दोन विशेश घडणुको जाल्यो. एक म्हणल्यार महात्मा गांधींचो 30 जानेर 1948 दिसा जाल्लो खून आनी दुसरी, 1962 त चीनान केल्लें

भारतावयलें आक्रमण. पाकिस्तानाच्यो कुरापतीय ताका त्रास दिताल्योच. कश्मीराचो प्रस्न घुस्पागोंदळाचो जाल्लो. पूण धिटायेन आनी स्वाभिमानान तो परिस्थितीक फुडो करतालो. गोंयचे सुटकेच्या संदर्भांत संवसारांतलो शांततायेचो दूत म्हणून ताजी जी प्रतिमा आशिल्ली तिका वेर गेली आनी ताजे नामनेक मोटोच दाग लागलो. गोंयचो प्रस्न सोडोवपाक ताणें लस्कराचो आदार घेतिल्लो आनी ताका लागून भारताच्या शांतताय धोरणाचेर खूब आंतरराष्ट्री टिका जाली. शांततायेचें नोबॅल पारितोषीक जें ताका मेळूं येतालें तें गोंयच्या प्रस्नाक लागून वगडावलें अशेंय खूब लोक म्हणटात. गोंयकारांनी नेहरूविशीं ताज्या त्यागाखातीर चड उपकारी आसूंक जाय म्हणटात तें फट न्हय. गोंयचेर ताचो सदांच मोग आसलो. गोंयाविशीं ताचें धोरण आनी नदर सदांच उदार आनी उकत्या काळजाची आशिल्ली.

आपले फाटल्यान आपणालें राजकी दायज कोणें चलोवंचें हेविशीं ताणें कांयच थरयलेंना; कोणाक केन्ना कितेंच सांगलेंना. लोकशायेंत लोकांनीच तें थरोवंचें अशें ताचें म्हणणें आसतालें.

निमाणचे दीस

1964 वर्साचो माय म्हयनो लागिल्लो. जवाहरलाल थकिल्ले कुडीन काम करितूच आशिल्लो. जुलय म्हयन्यांत लंडनाक कॉमनवॅल्थाची परिशद जावपाची आशिल्ली. जूनांत कश्मीरासंबंदी पाकिस्तानावांगडा वाटाघाटेची उलोवणी जावपाचीं आशिल्लीं. जायत्यो गजाली जावपाच्यो आशिल्ल्यो. पूण नियतीचो बेत कितें वेगळोच आशिल्लो. दैव केन्ना कोणाक सांगूंक कळळां? माय म्हयन्याचे अखेरेक निमाण्या सप्तकांत भलायकी इबाडली म्हणून दोतोराचे सांगणेवयल्यान तो दोन तीन दीस सुसेग घेवपाखातीर डेहराडूनाक गेलो. 26 मायाक दिल्लीक परतलो तो मातसो ताजपाण घेवन. येवंचे येवन फायली उसतुपाक सुरवात केली. थोडीं कामां सोंपयलींय बी.

27 मायाचो दीस उदेलो तो अशूभ घडणूक पोटांत घेवनूच. फाटींत

कळ येवपाचें निमित्त जालें. आनी सकाळच्या स वरांचेर सुमार हो म्हापुरूस कोसळ्ळो. वैजकी उपचार खूब केले पूण काळान मात केली. दनपारां दोनांक सुमार जवाहरलालजीन संवसाराचो निरोप घेतलो. एका युगाचो अशे तरेन अस्त जालो. सगलो संवसार शोकसागरांत बुडलो. मनीसकायेचो आदार हुमटून पडलो. भारताचो राष्ट्रपुरूस ना जालो.

पुज्य विनोबाजीन म्हळां, "पंडितजी राष्ट्रनेतो आशिल्लो अनी लोकनेतोय आशिल्लो". अशें दोनाय तरांचें नेतृत्व एकाच मनशाभितर आशिल्लें सोंपेपणीं खंयच दिसना. तो एक वटेन राष्ट्रपुरूस आशिल्लो जाल्यार दुसरे वटेन विश्वमानव आशिल्लो. आमच्या राष्ट्राचें हीत आनी सबंद विश्वाचें कल्याण एकूच; तातूंत विरोध आसूंच नजो असो ताजो विस्वास आशिल्लो.

जवाहरलालजीचें सगलें जिवितूच अलोकीक, असामान्य जिवीतभर तो देसबांधवांकडेन एकरूप जावन आशिल्लो. पूण मेलेउपरांतूय कणाकणान मायभुंयेकडेन एकरूप जावन रावपाची ताजी भव्य आनी दिव्य इत्सा आशिल्ली. 1964 त ताणें बरोवन दवरिल्ल्या मृत्युपत्रांत म्हणलां -

'म्हज्या देहाचो गोबर, जे भुंयेंत भारतांतले शेतकार रातदीस वावुरतात, कश्ट करतात ते भुंयेर शिंपडावन उडयात. म्हजे मेल्ले कुडीचे अणूरेणू लेगीत हे भारतमायेचे मातयेंत भरसूंक दियात. हे पवित्र भुंयेंत ते विलीन जावंचे आनी म्हाका अशे तरेन भारतभुंयेकडेन एकरूप जावंक मेळचें.'

'हे राखेंतली मूठभर भारताचे प्राचीन परंपरेचें, वर्तमान प्रयत्नांचें आनी पर्जळीत फुडाराचें प्रतीक आशिल्ले गंगेंत विसर्जीत करची.'

'भारती जनतेन म्हजेर हिसपाभायर मोग केलो. ह्या मोगाच्या रिणांतल्यान म्हज्यान केन्नाच मेकळो जावं नजो' नेहरूनूय भारताचेर आनी लोकांचेर तितलोच मोग केला हीय गजाल खरी पूण खरें म्हळ्यार मोग ही गजालूच अशी जंय कसलोच वेव्हारी हिशोब आसूं नजो.

ईत जवाहरलाल नेहरूच्या जिवितांतल्यो ंय म्हत्वाच्यो घडणुको

- नोव्हेंब्र 1889 अलाहाबादेंत जल्म
905 - आवय बापूय आनी भयणी वांगडा लंडनाक प्रयाण
907 - हॅरो सोडून कँब्रीजांतले ट्रिनिटी कॉलेजींत प्रवेश
910 - कँब्रीजांत पदवी आनी बॅरिस्टर जावपाखातीर लंडनाक गेलो.
912 - बॅरिस्टर जावन भारतांत परतलो.
912 - बांकीपूरच्या कॉंग्रेस अधिवेशनांत जवाहरलालजीची उपस्थिती.
915 - पयलेंच जाहीर भाशण
916 - कमला वांगडा थाटामाटांत लग्न
916 - लखनौंत गांधीजीकडेन पयलीवयली वळख
917 - इंदिरेचो (धूव) जल्म
919 - रॉलॅट ॲक्टाआड गांधीजीवांगडा सत्याग्रहांत सहभाग.
920 - कलकत्त्यांत कॉंग्रेस अधिवेशनांत वांटो.
921 - प्रिन्स ऑफ वेल्साच्या हिंदुस्तानांत येवपाआड बहिश्कारांत सहभाग आनी बंदखण
922 - मार्सांत बंदखणींतल्यान सुटका
922 - माय म्हयन्यांत परतीय अटक
923 - जानेरांत सुटका
926 - कमलादेवीचे भलायकेक लागून वॅनीस मार्गान स्वित्झरलँडाक प्रयाण
927 - मोतिलालजीवांगडा रशियेची भोंवडी
928 - संपूर्ण स्वराज्याचो थाराव पास
929 - लाहोर कॉंग्रेसीचें अध्यक्षपद
934 - कलकत्त्याक अटक

1935 - अलमोड्याचे बंदखणीत आत्मचरित्र बरोवन पुराय
1936 - कमलादेवीक मरण
1936 - लखनौ कॉंग्रेसीचें अध्यक्षपद
1937 - देसभर प्रांतीक वेंचणुको
1938 - जवाहरलालजीचे आवयचें मरण
1940 - आठवे फावट बंदखण
1942 - 'चले जाव' चळवळींत उडकी
1946 - कॉंग्रेस आनी मुस्लीम लीग हांचें संयुक्त मंत्रीमंडळ स्थापन
1947 - 15 आगोत–देशाक स्वातंत्र्य आनी प्रधानमंत्रीपद
1955 - 'भारतरत्न' हो भोवमान मेळ्ळो
1962 - चीनाचें भारताचेर आक्रमण
1964 - 27 मायाक महानिर्वाण

हीं भुरगीं
पांवरां कशीं
आनंद पिक्षीं
शब्दवनांत

राजहंस निनाद

बया पुस्तकांची पंगत ! धरा आमची संगत !!